गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

<u>सरकारी पत्रक</u>

**<u>मुख्यमंत्र्याहस्तुकीं मनोहर पर्रीकार प्रतिश्ठानचें उकतावण</u>**

ता. 14 डिसेंबर 2019

गोंयचे आदले मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांचे सपन साकार करपा खातीर सरकार आनी गोंयच्या लोकांनी एकवटान काम करपाची गरज आसा. आमचे गोंय भांगराळे राज्य करपाचे तांचे सपन आशिल्ले, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल खोर्ली म्हापशेंच्या सारस्वत विद्यालयाच्या सभाघरात आयोजीत कार्यावळीत सर्गेस्त मनोहर पर्रीकार प्रतिश्ठानचे उकतावण केले उपरांत उलयताना सांगले.

गोंयांत बुध्दिमान आनी कुशळ पिळगी निर्माण करपा खातीर स. पर्रीकाराचे प्रयत्न आशिल्ले आनी तांचे हे कार्य फुडें व्हरपाच्या उद्देशान सरकारान मनोहर पर्रीकार विज्ञान महोत्सवाचे आयोजन केला. ह्या महोत्सवा निमतान गोंयच्या युवकांक नामवंत वैज्ञानिकांचे विचार आयकुपाक मेळटले. गोंय विद्यापिठ प्रकल्पात स. मनोहर पर्रीकाराच्या नावान कायदो स्कुल सुरू केला, अशेंय मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी सांगले.

कार्यावळीचे मुखेल वक्ते म्हुण उलयताना डॉ.अनिर्वन गांगुली हांणी म्हणले, मन आनी विचार शुध्द आसल्यार यशाची खात्री मेळटा. राजकारण फकत आस्वासनां दिवपाखातीर आसचे न्हय जाल्यार कार्य करपा खातीर आसचे. कार्यतत्परता, जबाबदारी आनी पारदर्शकपणान लोकांच्या सहकार्यान उत्कृश्ट प्रशासन दिवप शक्य आसा.

डॉ. गांगुली हांणी फुडें म्हणले, स. पर्रीकार हांणी देशाचे संरक्षण मंत्री म्हुण काम करतना देशहिताकडेन तडजोड केली ना. तांणी देशहित मुखार दवरून ठोस निर्णय घेतले.

ह्या वेळार म्हापशेचे आमदार जोशुआ डिसौझा, आदले खासदार नरेंद्र सावयकार, स. पर्रीकाराचे पुत उत्पल पर्रीकार, मनोहर पर्रीकार प्रतिश्ठानचे अध्यक्ष रूपेश कामत, प्रतिश्ठानचे संस्थापक वांगडी सुखाजी नाईक आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्ले.

सुरवातीक प्रतिश्ठानचे संस्थापक वांगडी दत्ता खोलकार हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/863

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA